Panaji National 19th November 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेश आनी तमिळनाडूक भेट दितले.

बिहारांत एनडीएचे नव्यान वेंचून आयिल्ले आमदार आज  आपलो फुडारी वेंचून काडटले.

रानवटी जनावरांच्या हल्ल्याक लागून जावपी पिकाचें लुकसाणेचो आस्पाव आतां प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजणे खाला जातलो.

क्रिकेटांत रायजिंग स्टार आशिया कप सर्तीत भारत A पंगडांन काल रातीं ओमानाक स विकेटींनी हारोवन सेमी फायनलींत पावल घाले.

PM Andhra TN – 170

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेश आनी तमिळनाडूक भेट दितले. आंध्र प्रदेश भेटी वेळार मोदी पुट्टपार्थीत भगवान श्री सत्यसाई बाबा हांच्या पवित्र मंदिर आनी महासमाधीक भेट दितले आनी तांकां आदरांजली अर्पण करतले. भगवान श्री सत्यसाई बाबा हांच्या शताब्दी समारंभात ते सहभागी जातले. ह्या वेळार ते भगवान श्री सत्यसाई बाबा हांचे जीवन, शिकवण आणि चिरंतन वारसो हांचो सन्मान करपी एक स्मारक नाणें आनी तिकिटांचो संच प्रकाशित करतले.तशेंच कार्यावळी वेळार ते उपस्थितांक उद्देशून उलोवप करतले.

उपरांत प्रधानमंत्री तमिळनाडूंतल्या कोयंबटूर शारांत वतले आनी दक्षिण भारत सैमीक शेती शिखर सभेचें उक्तावण करतले. ह्या कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री मोदी देशभरांतल्या 9 कोटी शेतकारांक आदार दिवपा खातीर 18 हजार कोटी रुपयां मायज रकमेच्या पीएम-किसानाचो 21वो हप्तो जारी करतले. प्रधानमंत्री ह्या वेळार उपस्थितांक उद्देशून उलोवप करतले. आयज सावन सुरु जावपी दक्षिण भारत सैमीक शेती शिखर परिशद तमिळनाडू सैमीक शेती भागधारक मंच शाश्वत, पर्यावरणपूरक आनी रसायनमुक्त शेती पद्धतींक प्रोत्साहन दिवपा हेतान घडोवन हाडता. तीन दिसांच्या ह्या कार्यावळींत भारताच्या शेतकी फुडारा खातीर एक

कार्यक्षम, हवामान-स्मार्ट आनी अर्थीक नदरेन शाश्वत मॉडेल म्हणून नैसर्गिक आनी पुनरुत्पादक शेती कडेन वळपाक गती दिवपाचेर लक्ष केंद्रित केला.

Bihar – 130

बिहारांत एनडीएचे नव्यान वेंचून आयिल्ले आमदार आज पाटणांत बसका घेवन आपलो फुडारी वेंचून काडटले. भाजप, जनता दल (युनायटेड), लोक जनशक्ती पार्टी (रामविलास), हिंदुस्थानी अवाम मोर्चा आणि राष्ट्रीय लोक मोर्चा या पाच एनडीए पक्षांचे सगळे नवनिर्वाचित आमदार बसकेक हाजीर रावून युतीचो फुडारी वेंचून काडटले. मुख्यमंत्री नितीश कुमार हांची एनडीए विधिमंडळ पक्षाचे फुडारी म्हणून निवड जावपाची आस्त आसा. ते आज सरकार स्थापनेचो दावो करूक शकतात.

एनडीए विधीमंडळ पक्षाचे फुडारी म्हणून वेंचून आयले उपरांत नीतीश कुमार राज्यपाल आरीफ मोहम्मद खान हांका आपलो राजिनामो सादर करतले.

तशेंच आयज सकाळीं भाजपा आनी जदयू विधीमंडळ पक्षांची वेगवेगळ्यो बसका जातल्यो. भाजपाची बसका पाटणाच्या राज्य मुख्यालयांत पक्षाच्या केंद्रीय निरिक्षकांच्या फुडारपणा खाला जातली.

मजगतीं, पाटणाच्या इतिहासीक गांधी मैदानाचेर जावपा आशिल्ल्या मुखेलमंत्र्यांच्या सोपूत विधी सुवाळ्याची तयारी पुराय नेटान सुरू आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, एनडीए शासित राज्यांचे मुख्यमंत्री, आनी जायते अतिथि ह्या सुवाळ्याक हाजीर आसतले.

FM – 85

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल नवी दिल्लींत येता त्या केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 संबंदी उत्पादन क्षेत्रांतल्या तज्ञ आनी फुडाऱ्यां कडेन सव्या अर्थसंकल्पपूर्व सल्लामसलत बसकेची येजमानकी चलयली. ह्या बसकेक अर्थ राज्यमंत्री पंकज चौधरी हाजीरआशिल्ले. सल्लामसलती वेळार येता त्या अर्थसंकल्पाच्या संदर्भांत म्हत्वाचे धोरणात्मक पैलू, अर्थीक सुदारणा, नवनिर्माण

आदारीत उदरगत, गुंतवणूक संबंदीत आव्हानां आनी संद हांचे विशीं व्यापक आनी अर्थपूर्ण चर्चा जालीया अशे तांणी सोशल मिडिया पोस्टांत म्हळां. तशेंच हो संवाद अत्यंत उपेगी आनी सशक्त, समावेशक आनी उदरगतीचेर आदारीत अर्थसंकल्प तयार करपाचे दिकेन मार्गदर्शक थारलो अशें तांणी सांगलें.

Goyal – 60

भारत-अमेरिका भागीदारी घटमूट, स्थिर आनी धोरणात्मक आणि आर्थिक क्षेत्रांनि विस्तारत आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल सांगलें. काल नवी दिल्लींत इंडो अमेरिकन चेंबर ऑफ कॉमर्सांत उलयतना मंत्र्यांनी द्विपक्षीय संबंदा विशी हुस्को करपाचें कारण ना अशें स्पश्ट केलें आनी दोनूय राश्ट्रां मदली इश्टागत लोकशाय, विविधताय आनी सामायिक विकासात्मक दृष्टिकोनाच्या घट्ट स्तंभांचेर उबी आसा हाजो पुनरुच्चार केलो.

Prez – 50

उदकाची उपलब्धताय आनी सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर सगळ्यांनी एकठांय येवन काम करपाचे आवाहन राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी केला. हवामान बदलाचो आयज जल चक्राचेर परिणाम जावपाक लागला अशें तांणी सांगलें. राष्ट्रपती मुर्मू हांणी काल नवी दिल्लींत सवे राष्ट्रीय जल पुरस्कार 2024 आनी पयलो जल संचय जन भागीदारी पुरस्कार भेटयले. त्या वेळार त्यो उलयताल्यो.
Byte

Fasal Bima – 160

रानवटी जनावरांच्या हल्ल्याक लागून जावपी पिकाचें लुकसाण आनी भातपीक उदका पोंडा वचून जावपी लुकसाण हाजो आस्पाव आतां प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजणे खाला जातलो. सुधारित कार्यप्रणालीखाला, रानवटी जनावरांच्या हल्ल्याक लागून जावपी पीक लूकसानाक आता स्थानिक धोको या श्रेणीत पाचव्या अतिरिक्त वीमा कवचाअंतर्गत मान्यताय दितली, जाल्यार भातपीक उदका पोंडा वचून जावपी लुकसाण हाजो थळाव्या संकश्टाखाला परतून आस्पाव केला अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां. मंत्रालयान म्हणलां, राज्यां पिकाच्या

नुकसानाक जापसालदार आशिल्ल्या रानवटी जनावरांची वळेरी सूचित करतली. तसेच या आदिंच्या आकडेवारीच्या आधाराचेर अशा प्रकारच्या लूकसानीचो सगळ्यांत चड धोको आशिल्ले जिल्हे वा विमा केंद्रय राज्या अधिसूचित करतली. शेतकारांनी जिओटॅग केल्ले फोटो अपलोड करून पिक विमो ॲप वरवीं 72 वरां भितर लुकसाणाची म्हायती दिवची पडटली अशें तातूंत म्हणलां. 2026 च्या खरीप हंगामा सावन हो निर्णय सुरू जातलो. साबार वर्सा सावन देशभरांतल्या शेतकारांक हत्ती, रानदुकर, निलगाई, हरण, माकड ह्या सारक्या रानवटी जनावरांच्या हल्ल्यांक लागून पिकाचें वाडते लुकसाण जाला. आतां मेरेन अशें लुकसाणाचो पिकाच्या विम्या खाला आस्पाव नाशिल्ल्यान चड करून भरपाय मेळनाशिल्ली.

Railway – 85

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल कंटेनरांतल्या बल्क शिमीटाच्या शुल्काचे सुसूत्रीकरण आणि बल्क सिमेंट टर्मिनल्सखातीर धोरण जाहीर केले. हें धोरण शिमीट वाहतुकीखातीरच्या रेल्वे सुदारणांचो एक भाग आसा. नवी दिल्लींत धोरणाचें अनावरण करतना वैष्णव हांणी हो खिण परिवर्तनकारी

आशिल्ल्याचे म्हळें. तांणी सांगलें, ह्या सुदारणांक लागून मध्यम आनी गरीब कुटुंबांक आपलें सपनांतलें घर बांदतना शिमीटाचो खर्च उणो जातलो. नव्या धोरणा प्रमाण अंतर आनी वजनाचे स्लॅब काडून उडयल्यात. व्हड प्रमाणांत शिमीटाची वाहतूक करपा खातीर टँक कंटेनर पुरायपणान प्रदुशण मुक्त लॉजिस्टिकस उपाय थारतले अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

IMD – 55

भारतीय हवामान खात्यान आज अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात कांय सुवातिनी उटंगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आज आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे आनी लक्षद्वीपात कांय सुवातिनी गडगड आनी जोगला मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. ह्या म्हयन्याच्या 20 तारखे मेरेन मध्य महाराष्ट्र आनी मध्य प्रदेशांत कुडकुडयाचे शी पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

Cricket – 65

क्रिकेटांत काल कतारांतल्या दोहा हांगाच्या वेस्ट एण्ड पार्क आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जाल्ल्या निमाण्या गट बी मॅचींत भारत A पंगडांन काल रातीं ओमानाक स विकेटींनी हारोवन क्रिकेटांत रायजिंग स्टार आशिया कप सर्तीच्या सेमी फायनलींत प्रवेश केलो. पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेत, भारतीय पंगडांन ओमानाक २० षटकांत ७ बाद १३५ धावडयाचेर आडायले. ताका जाप दितना, भारत A पंगडांन १७ .५ षटकांत ४ बाद १३८ धांवड्यो करून लक्ष्य पुराय केले.

FIDE - ६०

गोंयात हडफड्या सुरु आशिल्ल्य्य FIDE संवसारीक कप २०२५ च्या सर्तीत काल उपांत्यपूर्व फेरीयेत भारतीय ग्रँडमास्टर अर्जुन एरिगेसीन वेई यी आडचो आपलो दुसरो क्लासिकल खेळ बादाबाद दवरपाक येस मेळयले. उपांत्यपूर्व फेरीतल्या पयलो क्लासिकल खेळ बादाबाद दवारल्या उपरांत, दोनूंय खेळगड्यांमदलो सेगित दूसरो खेळ लेगित बादाबद जालो. आता आयज टाय-ब्रेकात ह्या दोगांमदलो जैतीवंत खेळगडो निश्चित जातलो.